# जुवारी ॲग्रो कॅमिकल्स कारखान्यात कवायत प्रत्याक्षिकां

ता.24 एप्रिल 2018
04 वैशाख 1940

जुवारी नगरातल्या जुवारी ॲग्रो कॅमिकल्स कारखान्यात ता. 26 एप्रिल 2018 दिसा सकाळी 10.00 ते दनपरां 1.00 मजगती कवायत प्रात्यक्षिक कार्यक्रम (मॉकड्रील) आयोजीत करपात येतलो.

अपघाताच्या वेळार मनशाचो जीव आनी मालमत्तेचे लुकसाण जावपाचे टाळपाखातीर संबंदीत यंत्रणांकडल्यान घेवपात येवपी उपायांचेर कवायत प्रात्यक्षिकां जातली. कवायतीच्या काळात येरादारीक त्रास जावचो न्हय म्हूण पर्यायी रस्त्यावयल्या येरादारी वळोवपाखातीर वेवस्था करपात येतली.

आणीबाणीच्या वेळार घेवपाच्या उपायांविशी लोकांमदी जाग्रृती करपाखातीर अशा कवायतीची प्रात्यक्षिका करपात येता. ह्या मॉकड्रील कार्यक्रमात वेगवेगळी सरकारी आनी हेर यंत्रणा सहभागी जातली.

मॉकड्रील कार्यक्रमाक लागून जुवारीनगरातले रहिवासी तशेंच दाबोळी विमानतळ ते वेर्णा जंक्शन मेरेन प्रवास करप्यांची थोडी गैरसोय जातली. ते खातीर सगळ्यांनी सहकार्य करपाची मागणी दक्षिण जिल्हो न्यायदंडाधिका-यांनी केल्या.